**राज्यपालाहस्तूकीं बायोगॅस, इथानॉल इंदनाचेर चलपी बस गाड्यांचो शुभारंभ**

ता. 15 ऑगस्ट 2017

24 श्रावण 1939

बायोगॅस आनी इथानॉल इंदनाचेर चलपी बस गाड्यांक लागून प्रवासी वाहतूक सोयिस्कर आनी फायद्याची जातली, तशेंच पर्यावरणातले प्रदुशणय कमी जावपाक मदत जातली, अशें राज्यपाल डॉ. (श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी आयज पणजे पोरण्या सचिवालयाकडेन बायोगॅसाचेर चलपी एक आनी इथानॉलाचेर चलपी दोन बस गाड्यांचो शुभारंभ केल्या उपरांत उलयताना सांगले.

गोंयात सूरू जाल्ल्लो हो एक म्हत्वाचो प्रकल्प आसून देशातल्या हेर राज्यांनीय अशें प्रकल्प राबयतलें. स्कानिया इंडिया प्रा. लि. ना कदंब येरादारी महामंडळाच्या सहकार्यान सूरू केल्ल्यो ह्यो बसगाड्यो राज्यातल्या वेगवेगळ्या मार्गांचेर धावतल्यो.

भारतातल्या नागपूर शारा उपरांत गोंयात अशी प्रवासी बस गाड्यांची सेवा सूरू जाता आनी ह्या बस गाड्यांखातीर बायो इंदनाचो वापर जाता आशिल्ल्यान पर्यावरणाचे खुप कमी प्रमाणात नुकसान जाता.

कदंब येरादारी महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. डॅरिक नेटो हांणी प्रदुशणाविरयत येरादारीचो पर्याय स्वीकारून गोंयच्या सैमाचो सांबाळ करपाचो वेळ आशिल्ल्याचे सांगले.

स्कानिया कमर्शियल व्हेहिकल इंडियाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. मिकायल बेंज हांणी भारत देशान येरादारीखातीर बायोगॅसचो पर्याय स्वीकारील्ले खातीर तोखणाय करून बायो इंदन वापराच्या तंत्रज्ञानाखातीर गोंयाक मदत करपाक कंपनीचे सहकार्य आसतले अशें सांगले.